19th October 2025 Aakashvani Panaji 7.20 pm

## Regional News

### Cm wishes

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी दिवाळी सणाच्या शुभ प्रसंगार गोंयच्या लोकांक परबीं भेटयल्या आनी दिवाळीचो सण प्रत्येक नागरिकाच्या जीणेत खुशालकाय आनी समृध्दी घेवन येव, अशी प्रार्थना केल्या.मुख्यमंत्री आपल्या संदेशात म्हणटा "दिवाळी सणाच्या शुभ प्रसंगार हांव सगळयांक उर्बेभरीत परबीं दिता. दिवाळी हो उत्साहपूर्ण सण, जो उजवाडान काळखाचेर आनी सद्‌गुणांनी वायटाचेर मेळयिल्ल्या जैताचे प्रतिक जावन आसा. रावणाचो वध करून श्रीराम ह्या दिसा अयोध्येत परतलो. जनतेन दिव्यांची रोशणाय करून श्रीरामाक येवकार दिलो.दिवाळीचो उत्सव समाजात शांतीकाय, भावपण आनी जातीय सलोखो वाडोवपाक लोकांक उर्बा दिता. हो सण सगळयांक काळखातल्यान उजवाडाकडेन वाटचाल करपाची वाट दाखयता. दिव्यांचो उजवाड लोकांच्या जीणेतलो काळोख पयस करता.दिवाळीचो सण मनयतना आमी राज्याच्या कोनशा-कोनशाक गिज्ञानाचो उजवाड पसरावया. “आत्मनिर्भर भारत, स्वयंपूर्ण गोंय” चे उद्दीश्ट पुराय करपा खातीर लोकांनी थळावीं उत्पादनां खरेदी करपाक प्राधान्य दिवचे आनी राज्याच्या उदरगतीक हातभार लावचो. दिवाळीचो सण मनयतना आमी पर्यावरणपुरक उत्पादनाचो वापर करूया आनी उत्सव सुरक्षीत आनी प्रदुशणमुक्त करूया. दिवाळीचो सण प्रत्येकाच्या जीणेत नवी ऊर्जा आनी खुशालकाय घेवन येव. एकवटाच्या भावनेन दिवाळीच्या उजवाडान लोकांची मनां-काळजां प्रकाशमान जाव , अशें मुख्यमंत्री म्हणटा.

### Goa governor

गोंयचे राज्यपाल श्री. पुसापती अशोक गजपती राजू हांणी दिवाळीच्या शुभ आनी उमेदीच्या प्रसंगार गोंयच्या लोकांक उर्बेभरीत परबीं आनी शुभकामना भेटयल्या.राज्यपाल आपल्या संदेशात म्हणटा, दिवाळी सणाविशीं लाखांनी लोकांच्या काळजात विशेंश स्थान आसा. दिवाळी सण उजवाडान काळखाचेर, ज्ञानान अज्ञानाचेर आनी सद्‌गुणांनी वायटाचेर मेळयिल्ल्या जैताचे प्रतिक आसा. दिवाळीच्या सणानिमतान कुटुंबां एकटाय येतात, दिवें आनी कंदील पेटोवन घरांनी रोशणाय करतात आनी समाजात हो सण व्हडा उमेदीन आनी भक्तिभावान मनयतात. हो सण न्हय फकत खुशालकाय मनोवपाचो, जाल्यार आमचो

सांस्कृतीक वारसो आनी दया, एकजूट आनी सलोख्याच्या मुल्यांचो उगडास करपाचोय सण आसा. गोंया सारख्या विविधताय आनी गतीशील राज्यांत दिवाळीच्या सणानिमतान सगळयां समाजांमदी भावपण आनी शांतीकायेची भावना दिसून येता.दिव्यांच्या ह्या सोबीत उत्सवाच्या प्रसंगार हांव सगळयां लोकांक समाजाखातीर सकारात्मक योगदान दिवपाचो आनी गोंय आनी राष्ट्राखातीर पर्जळीत, अदीक आस्पावीत आनी शाश्वत फुडार निर्माण करपा खातीर  एकवटान काम करपाचो उलो मारता.हांव सगळयांक हर्षउल्हास आनी भाग्याची दिवाळी आवंडेता. दिवाळीचो उत्सव प्रत्येकाच्या  जीणेत शांतीकाय, भरभराट आनी सुख-समृध्दी  घेवन येव, अशें राज्यपालान आपल्या संदेशात म्हणटा.

GST

सरकारान सुरु केल्यो वस्तू आनी सेवा कर सुधारणाक लागून २२ सप्टेंबर सावन गिरायकांच्या डिस्पत्य वापराच्या वेगवेगळया वस्तू वेलो  कर दर कमी जाले . ह्या सुधारणांचो फायदो विमो गाडी घेवपाक आनी हेर कामाक कसो जात ते विषयी सांगतात फोंडेंचे  मनोज गावकर.

CNRT

आकाशवाणी पणजी केंद्र कंत्राटी पद्धतीचेर खबरा वाचका खातीर अर्ज मागयता. पदवी धर कोकणी भाशेचे पुराय गिन्यान तशेच भाषांतर करपाचेर प्रभुत्व आसप गरजेचे. अर्ज पावपाची निमणी तारीख 20 oct आसा. अधिक माहिती खातीर आकाशवाणीच्या खबरा विभागा कडे संपर्क साधचो.

Ravi naik

सर्गेस्त रवी नायक हे जनमाणसाचे फुडारी आशील्ले.तांची राजकीय किरकिर्द मार्गदर्शन करपी आसा.संघंर्श आसु वा आव्हाहन रवी नायक हांणी राजकारणात ताका धाडसान हाताळ्ळा अशे महाराश्टाचे मुखेलमंत्री देवंद्र फडणवीस हांणी म्हळा.

सर्गेस्त रवी नायक हांका आर्गा ओपपा खातीर आयज गोंय सरकारावतीन  पणजे कला अकादमीच्या मास्टर दीनानाथ मंगेशकर सभाघरात शोकसभेचे आयोजन केल्ले. ह्यावेळार मंत्री,आमदार,तशेंच भाजप कार्यकर्ते आनी रवी नायक हांच्या हीतचिंतकांनी हजेरी लायील्ली.

नगरसेवक,मंत्री, मुखेलमंत्री,खासदार अशो राजकिरणातल्यो रवी नायक हांची भुमिका सदाच उगडास दवरपासारखी आसा.कुळ मुंडकिरांचो विशय तांच्या सामको काळजाकडलो,भंडारी समाजाची एकी दवरपाचे बाबतीन लेगीत रवी नायक हांचे योगदान महत्वाचे आसा. तांका लोंकाबशेन हांव सुद्धा पात्राव म्हणटालो.रवी नायक हे आपल्या अणभवाचेर निंबुन आमका राजकारणात लेगीत मार्गदर्शन करताले अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हळा.

## SUBHASH

अज्ञानाच्या काळखांतल्यान ज्ञानाच्या उजवाडात व्हरपी दिव्यांचो उत्सव 'दिवाळी' फाल्या मनयतले. गोंयभर दिवाळेच्या येवकाराक लोक सज्ज जाल्यात. पांच दिसांचो हो उत्सव काल सावन म्हळयार धन त्रयोदशी सावन सुरू जाला. फाल्या दिवाळी. प्रतिकात्मक रुपान नरकासूराचो वध करून , कृष्णाचे पूजन करून राज्यातलो दिवाळी उत्सव सुरू जाता. १४ वर्सांचो वनवास सोपोवन श्रीराम अयोध्येक परत आयील्ल्याचो दिस म्हळयार दिवाळी अशींय एक आख्यायिका आसा. फाल्या सकाळी आंगाक उटणें , तेल लावन न्हावन नवे कपडे घालून समेस्त गोंयकार भाव दिवाळेंक येवकार दितले. फातोंटेर नरकासूराक जाळतकच मारांद-फोगोटयो लावन आपलो आनंद मनोवप ही गोंयकारांची खासीयत. मांगल्यांचे प्रतीक म्हूण दिव्यांची पूजा करून दिवाळी मनयतात. कांय वाठारांनी आजूच विजेची रोषणाय करुन घरां सजयल्ली दिश्टी पडटाली. २१ ऑक्टोबरा दीस लक्ष्मीपूजन आयलां. वेवसायीक आस्थांपनांनी , घरांनी आनी देवळांनी ते दीस सांजे तक्ष्मीपूजन जातले. पूजना उपरांत प्रसाद म्हूण चिरमुले वांटपांची प्रथा गोंयांत चालू आसा. लक्ष्मीपूजना उपरांतचो दिस म्हळयार गोरवांचो पाडवो. साडेतीन म्हूर्तातलो अर्दो म्हूर्त म्हूण लेगीत ह्या पाडव्याक म्हत्व आसा. गोठ्यांतल्या गोरवांची पूजा करून हो दीस मनयतात. आनी निमाणेकडेन भाऊबीज. हो दीस म्हळयार कार्तिक शुद्ध व्दितीया. भाव - भयणी मदलें पवीत्र नाते मनोवपाचो हो दिस. ह्या दिसा लग्न जाल्ली भयण आपल्या भावांक घरां आपोवन गोडशें करून वाडटा आनी हो दिस मनयता.

## Weather

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत चंडांत चड तापमान 34 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर ऊनयात उणे 26 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला. राज्यात फुडले काय दिस काय वाठरांनी ह्ल्को ते मध्यम प्रमाणात पावस पडू येता .

## स्पोर्ट्स

गोय फुटबॉल संघटनेचे विभाग 3 सशठ झोन लीग सरतींत कुडतारी जिमखाना आनी सरझोरा स्पोर्ट्स कलुबन आप आपली मॅच जिकली .मेची रोजरी चरचीच्या मैदानार जाली कुडतारी जिमखानान यूनायटेड क्लब ऑफ वेरनाक 5-1 गोल फरकानी हारायलो .